# शिक्षक पात्रताय परीक्षा 21 नोव्हेंबराक

ता. 18 नोव्हेंबर 2021

राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान गोंय शिक्षक पात्रताय परीक्षा आयतार ता. 21 नोव्हेंबर 2021 दिसा आयोजीत केल्या. ही परीक्षा राज्यांतल्या 15 केंद्रांचेर जातली. ह्या परीक्षेखातीर 4065 उमेदवारांनी  नोंदणी केल्या. परीक्षे खातीर सगळया केंद्रांचेर आवश्यक वेवस्था केल्ली आसून शांतादुर्गा हायस्कुल, दिवचल, मल्लिकार्जून विद्यालय हायस्कुल, काणकोण, लॉयला हायस्कुल, मडगांव, प्रेजेन्टेशन हायर सेकंडरी स्कुल, मडगांव, प्रेजेन्टेशन हायस्कुल, मडगांव, पुरूषोत्तम वालावलकर  हायर सेकंडरी स्कुल, म्हापशे, पिपल्स हायस्कुल, पणजी, सरकारी हायर सेकंडरी स्कुल, पेडणे, विस्काऊंट हायस्कुल, पेडणे, ए. जे. आल्मेदा हायस्कुल, फोंडें, एल. डी. सामंत हायस्कुल, पर्वरी, अवर लेडी मदर ऑफ पुअर हायस्कुल, तिळामळ केपे, युनियन हायस्कुल सांगे, सरकारी हायर सेकंडरी स्कुल, वाळपय, सेंट. जोसेफ इन्स्टिट्युट हायस्कुल, वास्को ह्या केंद्रांचेर परीक्षा जातली.

उमेदवारांनी तांणी निवड केल्ल्या परीक्षा केंद्राचेर प्रवेश कार्ड, सरकार/संस्थेन जारी केल्ले ग्राह्य वळखपत्रा सयत हजर रावचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/969

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji